राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो

20.०१.२०२६ @ ७.२५ AM

राजनाथ 110

दक्षिण गोंयच्या रहिवाशांचे आनी पर्यटन क्षेत्राक व्हड थाकाय दितना केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानी दाबोलीम आंतरराष्ट्रीय विमानतळ नागरी येरादारी खातीर पुरायपणान चालू उरतलो हाची पुष्टी केल्या. राष्ट्रीय राजधानींत संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी राष्ट्रीय राजधानीत झालेल्या एका उच्चस्तरीय बसके वेलार हे आश्वासन दिले. मोपाक नव्यान सुरु जाल्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार नागरी विमानांचें स्थलांतर करपाची शक्यताय आशिल्ल्यान बऱ्याच काळासावन आशिल्लो हुस्को सोडोवपाचो हे बसकेचो हेत आशिल्लो.मजगती भारतीय जनता पक्षाच्या राष्ट्रीय अध्यक्षांच्या निवडी खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक आनी हेर पदाधिकारी दिल्ली गेल्यात . भारतीय जनता पक्षाच्या राष्ट्रीय अध्यक्षांची निवड आज जावपाची आसा. भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हूण नितीन नबीन हांची निवड निश्चीत आसा.

Pib 45

26 जानेवारीक प्रजासत्ताक दीस मनयतले.राज्य पातळेचेर प्रजासत्ताक दीसाची कार्यावळ सकाळीं 8.15 वरांचेर ताळगांव पठाराचेर गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर जातली. राज्यपाल पुसपती अशोक गजपती राजू तिरंगो हुबोवन राष्ट्राक सलामी दितले आनी उपरांत गोंयच्या लोकांक मार्गदर्शन करतले.स्थळार पावतकच मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत आनी मुखेल सचीव डॉ.व्ही. कांडावेलु राज्यपालांक येवकार दीतले

Sir 65

आकाशवाणी पणजेच्या उच्च शक्ती प्रसारण केंद्रांत भारत सरकाराच्या कर्मयोगी प्रशिक्षण कार्यावळी खाला कर्मयोगी प्रशिक्षण कार्यावळ घडोवन हाडली तातूंत आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे सगळे कर्मचारी आनी अधिकारयांनी वांटो घेतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे उपमहासंचालक संदीप श्रीवास्तव हयांचे हस्तुकी प्रशिक्षण सत्राचें उक्तावण जाले. कर्मयोगी प्रशिक्षणान कर्मचाऱ्यांच्या कामाच्या दर्ज्यांत खूब सुदारणा जाल्या आनी फुडाराकूय अशें प्रशिक्षण चालूच उरतलें अशे ताणी म्हणले .Byte

Rashmi 70

मोरजी दर्यादेगेर आतां मेरेन, ह्या हंगामांत सुमार 15 ऑलिव्ह रिडली कांसवांनी 1500 वयर तांतयां घाल्यांत. रान खात्यान दर्यादेगेवेल्या ह्या तातयांची सुरक्षीतताय आनी राखण करून तांका सुरक्षीत उब दीवपाची सुवात राखुन दवरल्या.थळाव्या स्वयंसेवकां वांगडा रान खात्यान ह्या वाठाराचेर बारीक नदर दवरून धोक्यांत आशिल्ल्या ह्या कासवांच्याा जातीं खातीर सुरक्षीत वातावरण मेळचें. तशेंच तांतया घालपी कांसव आनी पिलां अडचणींत पडपी लायटी, आवाज आनी कार्यावळी खेरीज दवरून कासवाच्या प्रजननाक सहकार्य करचें अशें आवाहन रान खात्याच्या अधिकाऱ्यांंनी ह्यावेळार केलां.

Sushant Cm 140

'मुख्यमंत्री देवदर्शन यात्रा' येवजणे खाला दुसरी खाशेली ट्रेन मडगांव स्टेशनांतल्यान काल अयोध्येक वचपाक भायर सरली. राज्यांतल्यान वट्ट 1400 भक्त हातूंत यात्रेक गेल्यात. काल दनपारां 2 वरांचेर मडगांवच्यान रेल्वेक पांचवो बावटो दाखयलो. दक्षीण गोंयचे भक्त मडगांवच्यान, जाल्यार उत्तर गोंयचे भक्त थिवी स्टेशनावेल्यान रेल्वेंत बसले. ह्या वेळार आमदार कृष्णा साळकार, आमदार संकल्प आमोणकार, आमदार उल्हास तुयेकार आनी आमदार तशेंच जीटीडीसीचे अध्यक्ष केदार नायक आनी समाजकल्याण खात्याचे संचालक दीपक देसाय हे ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची मान्यताय मेळ्ळे उपरांत अंदू 'मुख्यमंत्री देवदर्शन यात्रा' येवजणेची नवी सुरवात जाल्या. ह्या वर्साची पयली ट्रेन वालांकिनी सायबिणीच्या दर्शना खातीर गेली, जाल्यार आतां दुसरी ट्रेन अयोध्येच्या राम देवळांतल्या श्री रामाच्या दर्शना खातीर भायर सरल्या.ह्यावेळार उलयताना पर्यटन उदरगत

महामंडळाचे अध्यक्ष केदार नायक हांणी अयाेध्येक राम मंदीर पुराय जाल्ल्यान ते पळोवपाची संद हे यात्रेवरवी भाविकाक मेळ्ळ्या अशें म्हळें. जाल्यार आमदार साळकार हांणी हे येवजणेखाला मुस्लीम भावांखातीर अजमेर यात्रा सुरु करची अशी मागणी केली.

RBI 60

निर्यात प्रोत्साहन अभियान, अंतर्गत शिपमेंट आदीच्या आणि उपरांतच्या निर्यात कर्जाचेर कळंतर अनुदान दिवपाक रिझर्व्ह बँकेन कार्यकारी मार्गदर्शक तत्त्वा जारी केल्यात. आरबीआयन सांगले की सरकारान निर्यात प्रोत्साहन अभियान अंतर्गत प्रायोगिक तत्वावर कळंतर अनुदान योजना सुरू केल्या. कार्यकारी सूचना परराष्ट्र व्यापार महासंचालनालयान अधिसूचित केल्यात. आरबीआयन सगळ्या अनुसूचित व्यावसायिक बँको सहकारी बँको आणि अखिल भारतीय वित्तीय संस्थांक पात्र निर्यातदारांक काटेकोरपणान लाभ दिवपाचे निर्देश दिल्यात.

Sports 10

गोंय विद्यापिठान आयोजीत केल्ल्या आंतर महाविद्यालयीन बायलांच्या पॉवरलिफ्टिंग सर्तींत व्ही.एम.सालगांवकार लॉ कॉलेजीन जैत जोडले

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **19** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. काय प्रमाणत धुके पातळू येता